# भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# वेचिक पूत



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Lazarus; Lazarus Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen; Sarah S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.

देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.





जेजूक देवाच्या माफी विशीं लोकांक सांगपाक खूब आवडटालें. पूण ज्यू फुडाऱ्यांनी ताच्या पापी लोकां कडेन आशिल्ल्या इश्टागतीची कागाळ केली. देखून जेजून तीन काणयो सांगल्यो, जेन्ना पापी आपल्या पात्कां खातीर दुख्ख करतात तेन्ना देव खोशी जाता.


पयली कथा शंबर मेंढरां आशिल्ल्या मनशाविशीं. एक वाट चुकता.
रोखडेंच गोठाणीन णव्वद सोडून ताचे बेपत्ता जाल्ल्या मेंढराक सोदपाक भायर सरलो.
3
गोठाण्यान मेंढरां मेळमेरेन सोद घेतलो आनी मेळ्ळीं. मागीर तो खांद्यार घालून खोशीन मेंढराक घरा व्हरता. ताणें आपल्या इश्टांक सांगलें, “म्हज्या वांगडा खोशी जा,
कित्याक हांवें गमावल्लो मेंढरो मेळ्ळो!”
4
जेजून स्पश्ट केलें की पश्चाताप करपी एका पापी मनशाक लागून सर्गार व्हड खोस आसा. पश्चात्ताप करप म्हणल्यार आमच्या पात्कां खातीर दुख्ख करप – सोडून दिवपा इतली दुख्ख करप!
5
जेजूची फुडली काणी एके बायले विशीं आशिल्ली, तिचे कडेन धा रुप्याचीं नाणीं आशिल्लीं, घडये तिची पुराय जिवीत बचत. एक भयानक गजाल घडली. तिणें आपलें एक नाणीं गमायलें.
6
झाडलें! झाडलें! झाडलें! ती बायल सगळेकडेन पळयत रावली. निमाणें तिका गमावल्लें नाणीं मेळ्ळीं. तिका खूब खोस जाली. तिणें कितें केलें हाचो अदमास काडूं येता? हय, तिणें आपल्या सगळ्या इश्टांक सांगलें!
7
परत जेजून म्हणलें, “पश्चाताप करपी एका पापयाक लागून देवाच्या देवदूतांच्या मुखार खोशी जाता.”
8


जेजून सांगिल्ली तिसरी काणी
सगळ्यांत दुख्खाची आशिल्ली.
तातूंत आपल्या बापायच्या
घरांतल्यान भायर सरल्ल्या
एका भुरग्या विशीं
उलयताले.
9


पयस देशांत त्या भुरग्यान आपले पयशे मूर्खपणान खर्च केले.
आतां तो कितें करूंक शकतालो? आनीक वायट म्हणल्यार
दुकळ पडलो. तो भुरगो उपाशीं मरूंक शकतालो.
10


उपाशीं निराश जाल्ल्या त्या भुरग्याक, दुकरांक जेवण
खावपाची नोकरी मेळ्ळी. पूण ताका कोणेंच जेवण दिलें
ना. तो दुकराचें जेवण खोशीन खातालो. घडये ताणें खाला
आसतलें! निमाणें त्या भुरग्याक होश आयलो. “घरांत परत
येतकच नोकर लेगीत बरें
जेवतात” ताका कळ्ळें.
11


“हांव घरा वचून
बापायक सांगतलों,
म्हज्या पात्कां खातीर
माफ करात. आतां तुजो
पूत जावपाक हांव पात्र
ना. तु म्हाका नोकर
म्हणून घेतलो अशी
आस्त बाळगता.”
12


तो भुरगो घरा थावन बरोच पयस आसताना,
ताच्या बापायन तो येताना पळेलो. खोशीन
बापूय धांवून परतून येवपी
पुता कडेन गेलो. ताणें त्या
भुरग्याक चुंबन घेतलें,
आनी ताका मिठी
मारली.
13


“बापूय, हांवें पातक केलां.
तुजो पूत जावपाक हांव पात्र
ना.” त्या भुरग्याक आपल्या
बापायक ताका नोकर म्हणून
घेवपाक सांगपाचें आशिल्लें.
पूण बापायन ताका मुखार
उलोवपाक आडायलो. “म्हज्या
पुता खातीर सगळ्यांत बरे
कपडे, चप्पल आनी एक
मुदी हाडून दिवची. आनी
व्हडल्या मेजवानीची
तयारी करची.”
14

गमावल्लो पूत मेळ्ळो म्हणून अद्भुत मेजवानी जाली. जेजून ही काणी सांगली कारण, पश्चात्ताप करून ताचे कडेन येवपी देवाक कसो आवडटा तें सांगपाक.



15

वेचिक पूत

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

लूक १५

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

16

# शेवट

45

60

17

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात!   जुांव 3:16

18